03.07.2025 7.25 am

रश्मि 110

गोंय सरकारान यत्ता पयलीं ते धावी आनी यत्ता धावी उपरांतच्या विद्यार्थ्यां खातीर ऑनलायन मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टल सुरू केला. ह्या उपक्रमाक लागून सुमार 50 हजार पात्र विद्यार्थ्यां खातीर शिश्यवृत्ती अर्ज सोंपें आनी पारदर्शक जातले अशी अपेक्षा आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणले.ह्या पोर्टलाचेर गोंय समाज कल्याण खाते,आदिवासी कल्याण खाते, तशेंच राज्य आनी केंद्र सरकाराच्या वेगवगेळ्या शिश्यावृत्तीचे अर्ज पात्र विद्यार्थ्यांक सहज उपलब्ध जातले. जाल्यार अर्जाचेर 15 दिस ते 1 म्हयन्याभितर प्रक्रिया जावन शिश्यावृत्तीचो लाव विद्यार्थ्यांक मेळटलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

21 वर्सां सकयल उण्यांत उणें एक भुरगें आशिल्ल्या गोंयांतल्या विधवा बायलांक आतां गृह आधार (₹1,500) आनी विधवा पेन्शन (₹2,500) दोनूय वट्ट म्हयन्याक ₹4,000 आदार मेळूंक शकता घोशणा समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी केल्या. byte

गणेश 90

राज्यातल्या दरेकी पंचायतीत उण्यात उणी एक तरी सहकारी सोसायटी आसतली. सहकार सोसायटी बगर एकूय पंचायत आसची ना, अशी मोख गोंय सरकारान दवरल्या. पोरण्या सहकारी सोसायट्यांक भोउद्देशी सोसायट्यांचो दर्जो दितले, अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली. केंद्रीय सहकारमंत्री अमित शाह हांचे फुडारपणाखाला दिल्लीत सहकार वर्सा निमतान मंथन बसका जाली. हे बसकेक 25 राज्यांचे सहकारमंत्री हाजीर आशिल्ले. गोंयचो सहकार मंत्री हे नात्यान बसकेक हांव हाजीर आशिल्लो, अशें मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी पर्वरी मंत्रालयात घेतिल्ले पत्रकार परिशदेत सांगलें.

6 जुलयाक फोंडा हांगा सहकार स्थापना दिसा निमतान कार्यावळ जातली, अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

DIP140

गोवा तियात्रा अकादेमीन रवींद्र भवन, बायना, वास्कोच्या जोडपालवान तिसरी अखिल गोवा आंतर शाळा नाट्य सर्त 2025 घडोवन हाडल्या तियात्राच्या पारंपारीक कला प्रकारांतल्यान गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचो प्रसार करपाचो हे

कार्यावळीचो हेत आसा. 4 जुलय क दनपारां 3.15 वरांचेर जावपी कार्यावळीचें उक्तावण येरादारी मंत्री मावीन गुदिन  करतले. ह्या काऱ्यक्रमाक तियात्रा अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा आनी वास्कोचे रविंद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हाजीर आसतले. ४ जुलयक बांबोलीच्या कुजीरा हांगाच्या रोझरी हायस्कुलांत 'काळीझ रोड्टा' हें नाटक सादर जातलें. ५ जुलय २०२५ क अवर लेडी ऑफ रोझरी हायस्कुलांत 'आयक्यू न्हय, ईक्यू जाय' हें नाटक सादर करतले. ७ जुलय क विद्या विहार हायस्कुल, ठाणे, कुठाली सुख मोंजे किते?'' हें तियात्र सादर करतले. 8 जुलय क सेंट झेवियर हायस्कुल, वेळ्ळी, सासाश्टी 'कोविड' ह्या विशयाचेर तियात्र सादर करतले. ९ जुलय क कुडतरीचे अवर लेडी ऑफ कार्मेल हायस्कुल, तियात्रा 'वेळ सादर करतले आनी सेंट रॉक हायस्कुल, टोल्कान्टो, वेळ्ळी 'ए.आय' तियात्र सादर करतले.

DIP 80

पर्यटन खातें 5 जुलय ते 7 जुलय 2025 मेरेन माशेलांतल्या श्री देवकी कृष्ण मंदिरांत फामाद  चिखल कालो उत्सव घडोवन हाडटा. ह्या उत्सवाचे मुखेल आकर्शण म्हळ्यार चिखल तळें, भक्ती उत्सव, गोंयचे संस्कृतीक कार्यावळी, गोंयचे शाकाहारी जेवण, पारंपारीक खेळ आनी कार्यावळी आदी आसता. 7 जुलयक सकाळीं 10.00 चिखल कालो जातलो. दर वर्सा हजारांनी पर्यटक ह्या उत्सवाचे साक्षीदार जातात. गोंयांत येवपी पर्यटकांची संख्या वाडत आशिल्ल्यान चिखल कालो महोत्सवाची गोंयची खाशेली परंपरा राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार प्रदर्शित करप आनी प्रचार करप हो ह्या महोत्सवाचो मुखेल हेत आसा.

स्पोर्ट्स 20

थायलंडांतल्या चियांग माई हांगा काल सांजवेळा जाल्ल्या एएफसी बायलां फुटबॉल आशियाई कप 2026 पात्रताय सर्तींत भारतान इराकाचेर 5-0 अशे दणदणीत जैत मेळयले

.IMD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडलो सप्तकभर व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला